**प्रधानमंत्री 31 मे दिसा गोंयच्या केंद्र पुरस्कृत येवजणांच्या लावधारकांकडेन संवाद साधतलें**

ता. 28 मे 2022

राज्य सरकार गोंयच्या लोकांच्या कल्याणाखातीर आपल्या विंगड विंगड येवजणांची अंमलबजावणी करपा वांगडाच कांय केंद्र पुरस्कृत येवजणांचीय अंमलबजावणी करता. ह्या फाटभूंयेर देशाचे प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी ता. 31 मे 2022 दिसा सकाळीं 9.30 ते दनपारां 12.30 मजगती गोंयांतल्या केंद्र पुरस्कृत येवजणांच्या लावधारकांकडेन संवाद साधतलें.

उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी आनी ग्रामीण विकास यंत्रणा हांचेवतीन मिनेझिस ब्रागांझा संस्था, पणजी आनी रविंद्र भवन , मडगांव हांगा संवाद कार्यक्रमाचें आयोजन केला.

पणजे संवाद कार्यक्रमाक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे आसतले. केंद्रीय बंदर,शिपिंग आनी उदकामार्ग राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक, भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे, पर्यटनमंत्री श्री. रोहन खंवटे, महसूलमंत्री श्री. आतानासियो मोन्सेरात, नुस्तेमारीमंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर, मुख्य सचीव पुनित कुमार गोयल हेवूय कार्यक्रमाक हजर आसतले.

मडगांवां संवाद कार्यक्रमाक येरादारी मंत्री माविन गुदिन्हो, कृशीमंत्री रवी नाईक, भौशीक बांदकाममंत्री निलेश काब्राल, उदकास्त्रोत मंत्री सुभाष शिरोडकर, खेळांमंत्री श्री. गोविंद गावडे, वीज मंत्री श्री. सुदीन ढवळीकर, समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय, राज्यसभा खासदार विनय तेंडुळकर आनी हेर उपस्थित आसतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/375

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji